# प्रधानमंत्र्या हस्तुकीं  पीएम-सूरज पोर्टल लाँच केलो

ता. 14 मार्च 2024

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आयज प्रधानमंत्री सामाजीक उत्थान एवम् रोजगार आदारीत जनकल्याण (PM-SURAJ) हो राष्ट्रीय पोर्टल लाँच केलो आनी सामाजीकदिश्ट्या वंचीत घटकांक रीण आदार दिवपाच्यो येवजणो गरजू मेरेन पावोवपाच्या उपक्रमाचो शुभारंभ केलो. तशेंच प्रधानमंत्र्यान विवीध सरकारी योजणांचो लाव घेतिल्ल्या वंचीत वर्ग, अनुसूचीत जाती आनी मागास वर्गांतले लावधारक आनी  स्वच्छता कर्मचाऱ्यां कडेन व्हिडीओ कॉन्फरन्सिंग वरवीं संवाद साधलो.

पाटो पणजी हांगा आयोजीत व्हिडीओ कॉन्फरन्सिंग संवाद कार्यक्रमाक उपस्थित  आशिल्लें पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी "पीएम-सूरज राष्ट्रीय पोर्टल" हो उपक्रमं वंचीत  लोकांच्या सक्षमीकरणा खातीर सुरू केल्लो आनीक एक म्हत्वाचो उपक्रमं आशिल्याचे  सांगून सन्मानीत जीणेपासून सदाच वंचीत उरिल्ल्या लोकांक आर्थिक आनी तांत्रिक आदार दिवपाच्या प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदृश्टीच्या प्रयत्नांची तांणी तोखणाय केली.

ह्या वेळार गोंय राज्य अनुसूचीत जाती आनी हेर मागास वर्ग वित्त आनी  विकास म्हामंडळाच्या येवजणांचो लाव घेतिल्ल्या कांय लावधारकांक  आर्थिक मदतीचे वाटप केले.

आमदार श्री. रुडोल्फो फर्नांडिस हांणी उपेक्षित लोकांच्या उदरगती खातीर नाविन्यपूर्ण येवजणो चालीक लायिल्ले खातीर केंद्र सरकारच्या प्रयत्नांची तोखणाय केली.

पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे, सचीव, समाज कल्याण सचिव श्री. सुभाष चंद्र, समाज कल्याण मंत्रालयाचे अवर सचीव श्री. अवधेश मेहता, समाज कल्याण संचालक श्री. अजित पंचवाडकर, महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. अनिल होबळे, एमडी श्री. देविदास गावकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या कार्यक्रमातल्यान  देशातल्या  वंचीत घटकांतल्या 1 लाख उद्येजकांक रीण मंजूर केले.

प्रधानमंत्र्यान NAMASTE येवजणेखाला सफाई कर्मचाऱ्यांक आयुष्मान हेल्थ कार्ड आनी पीपीई किट भेटयली.

कार्यक्रमात उलयताना प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी केंद्र सरकार समाजातल्या वंचीत लोकांच्या विकासा खातीर बादिल आशिल्ल्याचे सांगून  वंचीत घटकांतल्या एक लाख लावधारकांच्या बँक खात्यात 720 कोटी रुपयांची आर्थिक मदत थेट हस्तांतरित केल्ल्याचे तांणी सांगलें. आयज सरकारच्यो कल्याणकारी येवजणो दलीत, वंचीत आनी मागास समाजा मेरेन पावतात आनी लोक तांचो लाव घेतात, अशें सांगून तांणी  समाधान व्यक्त केले.

2047 मरेन विकसीत भारताच्या  उद्दिश्टाचो उल्लेख करून  प्रधानमंत्री श्री. मोदी हांणी वंचीत घटकांच्या विकासा बगर हे लक्ष्य पुर्ण करप शक्य नाशिल्ल्याचें सांगून आयचे सरकार दलीत, मागास, वंचीत आनी आदिवासींक गॅस कनेक्शन, बँक खाते, शौचालय ह्या सारख्यो सुविधा मेळटल्यो हाची काळजी घेता. गरीबा खातीर  फुकट राशन, वैजकीय उपचार, पक्की घरां, शौचालय, उज्वला गॅस कनेक्शन ह्या सारख्यो येवजणो राबयता, अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/178

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.